# राष्ट्रीय बाल शौर्य पुरस्कार 2018 खातीर अर्ज

ता. 18 जून 2018
28 जेष्ठ 1940.

भारतीय बाल कल्याण मंडळान राष्ट्रीय बाल शौर्य पुरस्कार 2018 खातीर अर्ज मागयल्यात. स्वतःचो जीव धोक्यात घालून निःसुवार्थान सेवा करपी भुरग्यांच्या धाडसी कार्याची दखल घेवप आनी हेर भुरग्यांक प्रवृत्त करप हो हे येवजणेचो उद्देश आसा.

विहित नमुन्यातलो पुराय भरिल्लो अर्ज केल्ल्या कार्याची सुमार 250 उतरांत सविस्तर माहिती, जल्मदाखलो, खबरांपत्रा/मासिकातल्यान शापून आयिल्ली घडणूकेच्या माहितीची कात्रणा, पुलीस रिपोर्ट आनी घडणूकेची हेर माहिती सॉफ्ट कॉपी आनी हार्ड प्रिंट कॉपीसयत 10 ऑगस्ट 2018 मेरेन बायला आनी भुरगी उदरगत संचालनालय, पोरणी शिक्षण खात्याची इमारत, 18 जून मार्ग, पणजी-गोंय 403001 हांगा सुपूर्द करचो.

अर्जाक शाळाचे प्राचार्य/मुख्याध्यापक, पंचायत/जिल्हा परिशद मुखेली, बाल कल्याण राज्य मंडळाचे सचिव वा अध्यक्ष, जिल्हाधिकारी, वरिश्ट सरकारी अधिकारी, पुलीस अधिक्षक अशा खंयच्याय दोग अधिका-याची शिफारस आसपाक जाय.

हया पुरस्काराखातीर भुरग्यांची पिराय 6 ते 18 वर्सां मजगती आसची आनी 2018 च्या पुरस्काराखातीर घडणूक 1 जुलय 2017 ते 30 जून 2018 काळा मजगती घडिल्ली आसची.

पदक, प्रशस्तीपत्र आनी रोख स्वरूपात पुरस्कार दितात. तशेंच आपवावूरवी संस्थाकडल्यानय इनामां दितात. पुरस्कार चार वर्गात दिता. पुरस्कार प्राप्त भुरग्यांक शालेय शिक्षणाखातीर मदत दितात. तशेंच अभियांत्रिकी, वैजकीय अशा वेवसायिक शिक्षणाखातीर शिश्यवृत्ती दितात.

अर्ज आनी चड माहितीखातीर बायला आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय,(फोन नं. 2235308 आनी 2426112) पोरणी शिक्षण खात्याची इमारत, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा संपर्क करचो.